Panaji Regional 19th May 2026 7.25am

CM –
मान्सून काळांत आपत्ती वेवस्थापना खातीर सरकाराची पुर्व तयारी पुराय जाल्या अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. सोमारा आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाचे बसके उपरांत ते माध्यमां कडेन उलयताले. Byte – 30
चिऱ्यांच्या खणीचेंर तशेंच मायनिंग पीटांत साचिल्लया उदकात पावसाच्या हंगामात पेवपाक वच्चे न्ही अशे आवाहन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हंणी गोंयकारांक केला. राज्यात पावसाच्या काळात धोकादायक उदका थळांचेंर सराकरान हे वाठार धोकादायक अशे दाखोवपी तक्ते लावपाक सुरुवात केल्यांची म्हायती तांणी दिल्या.

swimming
गोंय भलायीक खात्या वतीन साथीची दुयेसा पातळची न्ही म्हण फवारणी, तशेचं हेर गरज ती पावला उबारल्यात. हे शिवाय भायल्यान गोंयांत बांधकाम तशेचं हेर कामांखातीर येवपी मनशांची मलेरिया चाचंणी ताका काम दिवपी, तशेचं ते जंय भाड्याक रावतात तांणी करुन घेवप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. वीज खात्याक हुमकळपी वीजेच्यो सरयो तशेचं कळमल्ले आनी धोकादायक परस्थिती आशिलले लायटीचे खांबे काडपाक सांगल्यात अशी म्हायती तांणी दिल्या.
उदकास्स्रोत खात्यावतीन हुवार येवपी न्हयंतलो गाळ उसपाचे काम सुरु जाला. म्हापशेच्य तार न्हयी तलो गाळ काडपाचे काम लागी लागी पुराय जाला, जाल्यार पारोडा हे काम बेगीनुच सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

Rashmi Narse
गोंय सरकार 10 कोटी चौखण मिटर सुवात no development zone म्हण आरक्षित करतले. हातुन शेतकी जमीन, मीठागर, खाझन, खारफुटी, no development zone म्हण जाहीर करतले अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्‍वजीत राणे हांणी दील्या, नगर नियोजन खात्याच्या अधिकाऱ्या वांगडा बसका घेतल्या उपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.

Rashmi

गोंयांतल्या सरकारी अधिकाऱ्यांक आनी कर्मचाऱ्यांक शक्य आसल्यार भौशीक येरादारी, car pooling , ऑनलायन बसका आनी सरकारी वाहनांचो उणो वापर करपाच्या सरकारी सुचोवणी वीशी परिपत्रक सरकारान जारी केला.

इंधन बचतीच्या फांटभुयेर सरकारान हो निर्णय घेतला. आखाती देशात चलपी गेर्राच्या फांटभुयेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी इंधन बचत तशेंच पर्यावरणपुरक उर्जेच्या साधनाच्या उपेगिचेर भर दील्लो. हे फांटभुयेर गोयासयत हेर राज्यातले मंत्री आमदारांनी इंधन वाचोवपाचो संदेशृदीत स्वतचो car convoy उणो करप, मेट्रोत प्रवास अशा तऱ्हेचे व्हीडीयोच्या माध्यमातल्यान  समाज माध्यमाचेर इंधनाचो कमी उपेगाचो संदेश दील्लो.जाल्यार गोंय सरकारान  आता सरकारी कर्मचाऱ्यांक इंधनाच्या कमी उपेगाच्या फांटभुयेर संबंधित परीपत्रक जारी केला.

Fuel –

गोयभर पेट्रोल, डिझेल आनी LPG सारख्या गरजेच्या पेट्रोलियम उत्पादनांची फावो त्या प्रमाणांत उपलब्धता आसा आनी तांची पुरवण सुरळीत चालू आसा, अशे आश्वासन इंडियन ऑइल कॉर्पोरेशन लिमिटेड (आयओसीएल), भारत पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड आनी हिंदुस्तान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड सारख्या भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल विपणन कंपन्यांनी जनतेक दिला. काल जारी केलल्या प्रसिद्धीपत्रकात, राज्यातली पुरवठ्याची एकंदर स्थिती स्थिर आणि पुरेशी आसून, पुरवठ्याचे सगळे मार्ग तत्परतेन कार्यरत आशिल्ल्याचे तेल कंपन्यांचे गोयातले राज्यस्तरीय समन्वयक मधुरेंद्र के. पांडे हांणी म्हळां.

Sushant –

गोवा फॉरवर्ड पार्टी येत्या विधानसभा वेचणूकेत १२ ते १५ सुवातींचेर आपले उमेदवार उभी करतली. गोवा फॉरवर्ड पक्षाचे सर चिटणीस मोहनदास लोलयेकार हाणी मडगावा हि माहिती दिली. गोवा फॉरवर्ड पार्टीची काल आमसभा बसका जाली. पक्षाचे अध्यक्ष विजय सरदेसाय हांच्या येजमानके खाला जाल्ले हे बसकेंत वेगवेगळ्या विषयाचेर चर्चा जाली. गोवा फॉरवर्ड पार्टी आपली वांगडी नोंदणी मोहीम सुरू करतली.

३० मे मरेन मतदारसंघांनी आपल्यो गट समित्यो नेमतली अशी माहिती लोलयेकार हाणी काल घेतिल्ले पत्रकार परिषदेत दिली. ह्यावेळार पक्षाचे दुसरे सरचिटणीस दुर्गादास कामत, मुखेल म्हणयारे प्रशांत नायक तशेच हेर पदाधिकारी हाजीर आसले.

Weather –

गोंयांत 19 ते 21 मे ह्या काळांत जगलावणी आनी गडगडा सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. ते प्रमाण खात्यान गोंयांत 19 मे ह्या दिसा पावसाचो यलो अलर्ट जारी केला.

IPL –

IPL cricket सर्तींत आज जयपूरांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर राजस्थान रॉयल्स लखनौ सुपर जायंटस आड खेळटलो.